# कर थकबाकी धारकांक सेटलमेंट येवजण 2023 खाला आनीक एक संद

ता. 10 डिसेंबर 2025

ज्या कर थकबाकी धारकांनी सेटलमेंट येवजण 2023 खातीर वेळार अर्ज करूक ना वा अर्ज केल्लो पुण कसल्याय कारणा खातीर सेटलमेंट वरवीं कर, व्याज, दंड, हेर थकबाकीची गोंय वसुली कायदो 2023 (GRATIPOS) अंतर्गत तांच्या थकबाकीविशीं निणर्य जावक ना, अशां सगळ्या कर थकबाकीधारक डीलर्स/व्यक्तींक आनीक एक निमाणी संद दिवपा खातीर वाणिज्य कर आयुक्त कार्यालयान एक वेपारी परिपत्रक जारी केला, जातूंत वयल्या कायद्यात सुदारणा करून नवीन कलम 8 अ चो आस्पाव केला.

GRATIPOS कायदो, 2023 च्या नव्यान आस्पाव केल्ल्या कलम 8 अ प्रमाण डीलरान पयली 31 डिसेंबर 2025 दिसा वा ताचे पयली शंभर टक्के देय कर भरचो पडटलो आनी उपरांत व्याज, दंड आनी पुराय मूल्यांकन व्याज माफ करपाचो विनंती अर्ज ऑनलाइन फॉर्म IA त करचो पडटलो. GRATIPOS कायदो, 2023 च्या कलम 8 अ अंतर्गत ऑनलाइन अर्ज भरपाचो विहित फॉर्म IA खात्याच्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

कलम 8 अ अंतर्गत पात्र जावपा खातीर मागणी/देय 100% कर भरपाची निमाणी तारीख 31 डिसेंबर 2025 आसा आनी फॉर्म IA त व्याज/दंड माफ करपा खातीर ऑनलायन अर्ज दाखल करपाची निमाणी तारीख 31 मार्च 2026 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/942

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.